आकाशवाणी पणजीच्या

प्रादेशिक खबरा

१5/०१/२०२५ @ ७. २० pm

मुखेल खबरो

बायंगीनी कोयर प्रकल्प जगलोच अशे कोयरी वेवस्थापन मंत्री बाबूश मोन्सेरात हाणि स्पष्ट केला.

राज्य सरकारान उत्तर आनी दक्षिण गोत्यात दोन क्लस्टर युनिव्हर्सिटी स्थापन करपाचो निर्णय घेतला.

राज्यातल्या शारांक मेट्रो कडे जोडपाक येवजण तयार केल्या आता पुराय खबरो

GANESH 160

बायंगिणी कोयर प्रकल्प पुराय तिसवाडी म्हाला खातीर उपेगी आशिल्ल्यान हो प्रकल्प जातलोच, अशें कोयर वेवस्थापन खात्याचे मंत्री बाबूश मोन्सेरात हांणी स्पश्ट केलें. दर वाडिल्ल्यान प्रकल्पाची निविदा नव्यान जारी करतले. निविदा जारी जावन ऑगस्ट मेरेन काम सुरू जातलें, अशेंय मंत्री बाबूश मोन्सेरात हांणी सांगलें. कोयर वेवस्थापन मंडळाचे बसके उपरांत उलयतना मंत्री मोन्सेरात हांणी ही म्हायती दिली. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे अध्यक्षतेखाला जाल्ले बसकेक पर्यावरण मंत्री अलेक्स सिक्वेरा आनी हेर अधिकारी हजर आशिल्ले. बायंगिणी कोयर प्रक्रीया प्रकल्पाक ह्यान पयलींच सगळे तरेची मान्यताय मेळळ्या. सर्वोच्च न्यायालयानूय विरोधांतल्यो याचिका भायर मारल्यात. हाका लागून आतां प्रकल्पाक विरोध करपाक अर्थ ना. पर्यावरणाचो सांबाळ करपा खतीर सगळे तरेची जतनाय घेतले, अशें तांणी मुखार सांगलें. प्रकल्पाचो आराखडो तयार करून निविदा तीन वर्सां पयलीं जारी जाल्ली. निविदा जारी जावनूय तेन्ना काम सुरू जावंक ना. आतां दर वाडला. हाका लागून नवी निविदा जारी करतले. दोन म्हयन्यांनी निविदा जारी जावन ऑगस्ट मेरेन काम सुरू जातलें. प्रकल्प पुराय जावपाक दोन वर्सां लागतलीं. भारतीय पुरातत्व विभाग तशेंच सगळ्या यंत्रणांनी कोयर प्रक्रीया प्रकल्पाक मान्यताय दिल्या, अशे मंत्री मोन्सेरात हांणी सांगलें.

RASHMI 70

राज्यात इंटरनेट सुविधा दीवपी वेवसायिकांक 31 जानेवारीमेरेन गोंय म्हायती आनी तंत्रगिन्यान खात्याकडे नोंदणी करप ह्यानफुडे सरकारान गरजेचे केला .जे

वेवसायिक ही नोंदणी करीनात तांचे इंटरनॅट केबल काडुन उडोवपाचो निर्णय ह्यावेळार जाला.मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत,म्हायती आनी तंत्रगिन्यान खात्याचे मंत्री रोहन खंवटे तशेंच मुखेल सचिव डा.वी केन्डावेलु हांच्या हजेरीत आयज इंटरनॅट सेवा,तशेंच ह्या कॅबलाच्यो वायरी लावपाची चुकीची पद्धत,तशेंच राज्यातल्या इंटरनेट सेवा दीवपी वेवसायिकांची म्हायती आनी तंत्रगिन्यान खात्याकडे नोंदणी हे विंशी ह्यावेळार चर्चा जाली.

SANTOSH 95

वास्को रेल्वे पुलाक उंचाय दिवपाच्या कामाक लागून थाळाव्या लोकांनी हे फावट मात्शे त्रास सोसचे अशी मागणी आमदार दाजी साळकार हाणी केल्या.

साळकार हाणी आयज सरकारी अधिकारी तशेंच रेल्वे अधिकाऱ्यां सयत सेंट ॲन्ड्रू इगर्जे लागसार आशिल्ल्या रेल्वे पुलाक उंचाय दिवपाच्या कामाची पळोवणी केली. ह्या वेळार उलयताना आमदार साळकार हाणी म्हळा, की सध्याचो पुल सकला आशिल्ल्या कारणान व्हडल्यो गाडयो पासार जावप कुस्तार जाता. पुलाची उंचाय वा ढोवपाच्या कामाक सुरवात जातकच कांय सुवातांनी पावसाच्या उदकाक लागून हुवार येवपाची शक्यता आसा. तशें जालें जाल्यार थाळाव्या लोकांनी मात्शी कळ सोसची पडटली म्हणपाची म्हायती आमदार दाजी हाणी दिल्या. ह्यावेळार नगराध्यक गिरीश बोरकार हाजीर आसलें .

PRASAD 280

गोंय सरकाराचे शिक्षण खातें आणि गोवा शिपयार्डच्या जोडपालवान लायन्स क्लब ऑफ फोंडा, लायन्स क्लब ऑफ म्हापसा,लायन्स क्लब ऑफ म्हापसा एलीट हांच्या वतीन बार्देज तालुक्यांतल्या शाळेंतल्या शिक्षकां खातीर 3 दिसांचो प्रमाणीत वरिश्ठ पयली मदत प्रशिक्षण कार्यावळ आयोजित केली. ही कर्यावळ म्हापसाच्या सारस्वत विद्यालयाच्या आनंद गिरी केणी सभागृहात जाली. तीन दिसांच्या वरिश्ठ प्राथमिक मदत प्रमाणीत प्रशिक्षण शिबिराचें समारोप सुवालो आज संपन्न जलो. हें शिबिर बरदेझ तालुक्याच्या शिक्षकां खातीर आशिल्ले आनी तातूंत वेगवेगळीं प्राथमिक मदत पद्दती तशेंच तंत्रीक पद्दतीन आपत्कालीन स्थितींत खंयच्यो सेवा दिवच्यो हें शिकयले. नामनेचो प्रशिक्षक डॉ.जॉर्सन फर्नांडीस ह्या शिबिराचे मुखेल प्रशिक्षक आशिले. ह्या शिबिरांत सहभागी शिक्षकांक वेगवेगळीं पयली मदत उपचार पद्दती आनी आपत्कालीन सेवा तानी दाखयली. समारोप सुवाळ्यात गोंय शिपयार्डाचे मुखेल वैजकी अधिकारी डॉ वेदपाल तारी, लायन्स क्लबाचे अधिकारी आनी ह्या प्रकल्पाचे समन्वयक सुदेश बोरकार हाजीर आशिल्ले.. ह्या वेळार गोवा शिप्यार्डचे मार्क गोंसालववीस, मारिया फर्नांडीस, लायन्स क्लब ऑफ फोंडाचे सचिव दुर्गप्रसाद पै ,

लायन्स क्लब ऑफ म्हापसाचे अध्यक्ष श्रीधर नायक,लायन्स क्लब ऑफ म्हापसा एलीटचे अध्यक्ष दिएगो फर्नांडिस, आणि हेर मानेस्त हाजिर अशिल्ले.

Desk Rozgaar 30

पुनर्वसन महासंचालनालय संरक्षण मंत्रालय जानेवारीक ७ वर सावन स्टेडियम वारुणापुरी मंगोर हिल वास्को हांगा रोजगार मेळाव्याचे आयोजन करता अधिक म्हयीती खातिर WWW.DGRINDIA.GOV.IN ह्या संकेत थळक भेट दिवची

RAJASHRI VIDYAPTH 160

राज्य सरकारान उत्तर आनी दक्षिण गोंयांत दोन क्लस्टर युनिव्हर्सिटी स्थापन करपाचो निर्णय घेतला अशे मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी मंगळारा पत्रकारांकडे कडेन उलयतना ही म्हायती दिली. नव्या शिक्षण धोरणांत अशीं विद्यापिठां स्थापन करपाची तरतूद आसा. ते प्रमाण हीं विद्यापिठां स्थापन करतले. विद्यापिठ अनुदान आयोगान हे संबंदी राज्य सरकारांक पयलींच मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यांत. ताचो अभ्यास करूनच हे बाबतींत पावलां उबारल्यात.

उच्च शिक्षण संचालनालयांतल्यान मेळिल्ले म्हायती प्रमाण गोवा सरकारान नव्या विद्यापिठांची स्थापणूक करपा संबंदी मुंबय विद्यापिठा कडेन चर्चा सुरू केल्या. हें काम मुखार व्हरपा खातीर विद्यापिठा कडेन संबंदीत शिक्षणतज्ञ येतले. हे शिवाय गोयच्यान एक शिक्षण तत्न्याचो एक गट कुन्नूर हांगा रोखडोच वतलो.

गट विद्यापिठांचीं खाशेलपणां म्हळ्यार

1: कांय नामनेचीं म्हाविद्यालयां विलीन करून एकाच विद्यापिठाखाला हाडटात.

२ ह्या विद्यापीठांक कांय प्रमाणांत शिक्षणीक आनी प्रशासकीय स्वायत्तताय दितात.

3 संसाधनांचो सामायिक वापर: प्रयोगशाळा, ग्रंथालयां, संशोधन सुविधा एकठांय वापरतात.

4 चड अभ्यासक्रम आनी संदी: वेगवेगळ्या म्हाविद्यालयांच्या बळग्याचेर आदारून जायते नवे अभ्यासक्रम आनी संशोधन प्रकल्प उपलब्ध आसात,

एकाच सुवातेर वेगवेगळ्या मळार शिक्षण आनी संशोधन करपाची संद मेळटा हे विद्यार्थ्यांक फायदे

Metro RAJASHRI 170

राज्य सरकारान आतां राज्यांतल्या शारांक मेट्रो कडेन जोडपाची येवजण तयार केल्या. ते खातीर उण्यांत उणे पांच हजार कोटी रुपया खर्च जातले अशी अपेक्षा

आसा. कोंकण रेल्वे म्हामंडळा वरवीं हो प्रकल्प चालीक लावपा खातीर राज्य सरकारान अर्थसंकल्पीय तरतुदीची करपाची मागणी केल्या.

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी जैसलमेरांत अर्थसंकल्पा पयलीं चर्चा करपा खातीर आपयल्ले बसकेंत ही येवजण मांडली. रस्त्यांचेर येरादारीचो दबाव आनी सागरमाला प्रकल्पाक कळाव जाल्ल्यान मेट्रोचो पर्यायर विचार सुरू केल्लो. हाचे आदीं मुख्यमंत्र्यान दिल्लींत जाल्ले बसकेंत चर्चा केल्ली.

ह्या प्रकल्पा खातीर सविस्तर येवजण तयार करपा खातीर सरकारान सल्लागाराची नेमणूक केल्या. सध्या सगळें नियोजनाच्या पांवड्यार आसलें तरी केंद्र सरकार मजत दिता हाची खात्री करपा खातीर सतत पाठपुरावा करतले. फुडल्या अर्थीक वर्सा ह्या प्रकल्पाची तयारी पुराय जाली तरी ताका सुरवात जावपाक कांय वर्सां लागतलीं. खंय तरी सुरवात करची पडटा, आनी तें अर्थसंकल्पा पयलींच्या बसकांनी प्रस्ताव सादर करून केलां अशे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हळां

सादरीकरण केलें. उपरांत जैसलमेरांत जाल्ले बसकेंतय सादरीकरण केलें. ही मेट्रो मार्ग मोपा हांगाच्या मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळार पावतली.

नेटवर्क वाडोवपाची येवजण आसा आनी सध्या पेडणें रेल्वे स्टेशन लोहामागनी विमानतळाक जोडपाची मागणी आसा.

Rajashri sangit 100

गोय संगीत महाविद्यालय घेवन येता गोयचे दायज गोयची संस्कृताय कार्यावळ. २३ आनी २४ जानेवारीक कला आनी संस्कृती सभाघरात ही कार्यावळ जातली. गोयचे पारंपरिक लोककला मनोवप आनी ताचो प्रसार करपाचो ह्या कार्यावळीचो हेत आसा. गोयची लोककला जशे नमन, गडे , झाडो , धालो, फुगडी, मोरूले, होवयो, जागर अशा साबार लोककलेचो आढावो आनी प्रसार करपाक ह्या संगीत महाविद्यालयाच्या भुरग्यांनी तोखणायचो वावर ह्या कार्यावळीत केला. हातूंत नामनेचे तत्न्या वांगडा हेर जाणकार वाटो घेवन आपले विचार मांडतले आनी म्हाईती दितले. तशेच प्रदर्शनुय मांडतले. ह्या कार्यावळीक व्हडा संख्येन उपस्थित रावचे अशे आवाहन विध्यार्थी सरसचिव मेधाज धेंपो आनी विध्यार्थी सांस्कृतिक सचिव विश्वेश परब हाणी केला

DESK 90

कला अकादेमीच्या कलाकार श्रेणी खाला 49 वें राज्य कला प्रदर्शन 8 ते 12 फेब्रुवारी 2025 मेरेन कला अकादेमी गोंयच्या आर्ट गॅलरींत जातलें. नेम आनी

अटी सयत प्रवेश अर्ज 27 जानेवारी  सावन आदिलशाह पॅलेस, (पोरनें सचिवालय), पणजे हांगाच्या कला अकादमी कार्यालयांत मेळटले.

प्रदर्शना खातीर नोंदी 3 आनी 4 फेब्रुवारीक सकाळीं 10:00 ते दनपारां 1:00 आनी दनपारां 2:00 ते दनपारां 4:00 मेरेन कला अकादेमी गोंयच्या आर्ट गॅलरींत स्वीकारतले.

निर्दिश्ट तारीक, वेळ आनी अपूर्ण प्रवेशिका मान्य करच्यो नात. सगल्या इत्सूक गोंयकार कलाकारांनी थारायिल्ल्या काळा भितर आपले प्रदर्शना वांगडा आपली प्रवेशिका सादर करची अशें कला अकादेमीन आवाहन केलां.

RAJASHRI IDC 130

गोंय उद्देगीक उदरगत म्हामंडळ (गोवा आयडीसी) हांणी पाटो पणजीतल्या नोवोटेल हांगा बँकिंग ऑन ग्रोथ एम्पॉवेरिंग MSMEs  ठरू कोलॅबोरेशन ह्या नांवान कार्यावळ घडोवन हाडली. ह्या काय्रक्रमांत ३१ मुखेल बँकांनी वांटो घेतलो. गोयतल्या सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देगांची वाड करपा खातीर अर्थीक क्षेत्राच्या वचनबद्धते वरवीं गोयच्या उद्देगीक आनी अर्थीक उदरगतीक चालना दिवपा खातीर बँकींग समाज आनी एमएसएमई हांचे मदीं सहकार्य वाडोवप हो कार्यावळीचो मुखेल हेत आशिल्लो. तशेंच उद्देगीक भूखंड वितरण, हस्तांतरण प-भाडेपट्टा प्रक्रिया सुलभ करपा खातीर गोंय उद्देगीक उदरगत म्हामंडळ (वितरण, हस्तांतरण आनी उप-भाडेपट्टा) नियम-2023 च्या धोरणा विशीं उद्देगीक भागधारकां मदीं जागृताय निर्माण करपाचो हेतू आशिल्लो. जीआयडीसीचे एमडी प्रविमल अभिषेक, फिलोमेनो परेरा, यतीन काकोडकार, संतोष केकरे आनी अनिरुद्ध धेम्पो हांणी मार्गदर्शन केले. अर्थ मळा वेले तज्ञ संतोष केकरे हांणी कार्यावळीच्या मुखेल सत्रांत गोंयांतल्या एमएसएमई क्षेत्राक अर्थीक पुरवण करपा खातीर सक्रिय धोरणांचेर भर दिलो.

RAJASHRI KARYASHALA 90

ब्रेस्तारा 16 तारखेक पणजेंत, राष्ट्रीय स्टार्टअप दिसा निमतान,गोंय सरकाराच्या म्हायती तंत्रज्ञान, इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी संचारण विभागांतल्या स्टार्टअप आनी आयटी प्रमोशन सेल (SITPC) तर्फे स्टार्टअप समाजाक एकठांय हाडपाच्या नवे संदी निर्माण करपाच्या हेतान एक खाशेली कार्यशाळा घडोवन हाडटले. ही कार्यशाळा दनपारां 2:30 ते सांजे 7 मेरेन जातली. ही कार्यशाळा स्टार्टअप संस्थापक, उद्देजक, नवनिर्माते, मार्गदर्शक, आनी वेगवेगळ्या भागधारकां खातीर गिन्यान वांटप, नेटवर्किंग, आनी नाविन्यपूर्णतेचे आदानप्रदान करपा खातीर एक म्हत्वाची माची आसतली. ह्या वेळार वेगवेगळ्यो कार्यशाळा, नाविन्यपूर्ण

उपाययोजना, आनी प्रात्यक्षिका सादर करतले, जाका लागून भाग घेवप्यांक तांची वेवसायीक संकल्पना आनी कुशळटाय सुदारपाची संद मेळटली.

RAJASHRI EDII 125

भारतीय उद्देजकता उदरगत संस्था (ई डी आय आय), गोंय शाखा आनी अर्थीक उदरगत म्हामंडळ (ईडीसी) हांच्या सहकार्यान 28, 29 आनी 30 जानेवारीक ईडीसी हाऊसांत 3 दिसांची उद्देजकता उदरगत कार्यावळ घडोवन हाडटा . ही कार्यावळ हाचे आदीं 8 जानेवारी ते 10 जानेवारी मेरेन घडोवन हाडिल्ली. होतकरू तरणाटे उद्देजक आनी प्रस्थापित उद्देजकांक सी एम आर आय येवजणे खाला ही कार्यावळ घडोवन हाडली. हातूंत उद्देजक प्रवृत्ती आनी क्षमता विकसीत करप, गिरायक संबंध वेवस्थापन, आनी स्पर्धात्मक बाजारांत येस मेळोवप हांचो आस्पाव जाता. अर्थीक वेवस्थापन आनी मार्केटिंग धोरण, आनी वेवसायाच्या कायदेशीर बाबी विशीं मार्गदर्शन दिल्लें.

ह्या कार्यावळीक बरो प्रतिसाद मेळ्ळो. ताचे खातीर 60 परस चड लोकांनी नोंदणी केली. गोंयच्या वेगवेगळ्या वाठारांतल्या उद्देजकांक इडी आय आय, अहमदाबाद हांगाच्या अणभवी प्राध्यापकांच्या मार्गदर्शनाचो फायदो जालो. सहभागी उद्देजकांनी ह्या सूत्रबद्ध प्रशिक्षण कार्यावळीची तोखणाय केली.

आनी आता खबरो सोपोवचे पयली काय मुखेल खबरो

आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें फालया सकाळी सात वरा पंचवीस मिनटांचेर. नमस्कार